Panaji regional news

27 .09.2025, 7.20pm

म्हजे घर येवजण

म्हजे घर येवजण 4 ओक्टोबराक केंद्रीय गृहमंत्री अमीत शाहा हांच्या हस्तुकी लॉंच जातली. ही कार्यावळ श्यामा प्रसाद मुर्खजी सभाघरात सांजेंच्या 4 वराचेर जातली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी live  interaction च्या माध्यमातल्यान उलयतना दीली म्हायती. 4 ओक्टोबरा उपरातं  म्हजे घर  येवजणेवरवी घरा कायदेशीर करपाखातीरचे अर्ज उपलब्ध जताले. पंचायत तशेचं  नगरपालिकांनी हे अर्ज अशी घरा आशिल्लयामेरेन पावोवचे. ह्या येवजणेवरवी सरकारी, कम्युनिदाद, खासगी, सुवातीनी आशिल्ली घरा, तशेंच 1972  वर्सा पयली बांदिल्ली  मात  कागदोपत्री आडमेळी खातीर  कायदेशीर जावपाची उरील्ली घरा कायदेशीर करतले. 6 म्हयन्याभितर हे अर्ज  भरुन दिवपाची मुजत सरकारान दवरला.  सुवातीच्या मोल कितेल ते कांय दिसानी सरकार  अधिसुचित करतले अशी म्हायती  ह्यावेळरा मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हीँदिल्या. रान हक्के दावे जमनिच्यो सनदी वाटपाची कार्यावळ लेगीत  4 ओक्टोबराक  जातली अशी म्हायती तांणी दिल्या

स्वंयपुर्ण गोंय

स्वंयपुर्ण गोंय ही मोहिमेक ह्या 2 ओक्टोबराक 5 वर्सा पुराय जातात. स्वयंपुर्ण गोंय करपाक स्वंयपुर्ण मित्रांनी केल्ली कामगिरी तुस्त करपासारकी आसा. ताका लागुन सादन्न सुविदा सयत, मनशाची उदरगत करपाच्या नदरतेल्यान महत्वाचे काम जाला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणल्. पाटल्य पाच वर्सात स्वयंपुर्ण गोंयाखातीर स्वयंपुर्ण मित्रांनी किते काम केला ताचो नियाळ घेवपी एक पुस्तिका  4 ओक्टोबरांक  सरकार लॉंच करतले. तशेच स्वंयपुर्ण मित्रांक तांचे काम शेट नेटान फुडे सुरु उरचे म्हण एक रकमी 50 हजार रुपया मानधन दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर

प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. स्वयपुर्ण मित्रांच्य कामाचो नियाळ नोडल अधिकारी घेतात. पंचायती साधन सुविदांची उदरगत करपाखातीर दिल्लो 50 लाखाचो निधीचो उपेग, तशेचं कोयराचे वेवस्थापन करपाक दिल्लया निदीचो उपेग कसो जाता ताचो नियाळ स्वयंपुर्ण धिकारी घेतले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्री जोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. सेवा पकवाडाच्या फांटभुयेंर आयोजित केल्लया थेट संवादावेळार उलयताना मुखेलमंत्र्यान ही घोशणा केल्या.

मंत्री रोहन खंवटे

गोंय पर्यटनांक संसांरभरातल्या पर्यटकाकंडल्यान प्राधान्य मेळटा. पोरु परस अंदु 2025 च्य पयल्या 6 म्हयन्यात गोंयांत पर्यटकाचो येवपाचो आकडो वाडला. गोंय पर्यटन आता फकत sun, sand and seaपुरतेच मर्यादित उरुंक ना, जाल्यार spiritual, wellness, adventure, rural, culinary, खेळांचे केंद्र आशिल्ले पर्यटन थंळ जाला अशे गोंय पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला. ते जागतिक पर्यटन दिसांच्या फांटभुयेरं पणजे हॉटेल ग्रेण्ड हयात हांगा पर्यटन जाळवणदारांच्या परीशदेच्य उक्तावण सुवाळयावेळार उलयताले. सास्वत, तशेचं responsible आनी सुरक्षित पर्यटनाक गोंय सरकार महत्व दिता अशे मंत्री खंवटे हांणी म्हणले. Tourism and susstainable transformation ह्या संकल्पनेवरवी ह्या पीरशदेचे आयज आयोजन केल्ले. ह्यावेळार गोंय पर्यटनांक उर्बा दिवपी सोशल मिडीयाच्या influencersचो भौमान मान्सेतांच्या हस्तुकी जालो. परीशदेदरम्यान गोंयचे पर्यटन शाश्वतरित्या आनीक कशी उदरगत करुंक शकता ह्या विशयाचेरं पर्यटन मळावेल्या जाळवणदारांनी चर्चा केली.

नारी सशकत

शिरोडा भलायकी केंद्रा वातीन शिरोडा आरोग्य केंद्रांत स्वस्थ नारी सशकत परिवार अभियान जालें. ह्या वेळार जाल्या आरोग्य तपासणी शिबिरात शिरोडा पीएचसीची भलायकी अधिकारी डॉ सीमा पै फोंडेकार हांच्या मार्गदर्शना खाला ही कार्यावळ घडोवन हाडली. या कार्यावळीचे उद्घाटन शिरोडाचे सरपंच पल्लवी शिरोडकर आनी पंच वांगडी

अक्षय गावकर, समाज वावूरपी डॉ. गौरी शिरोडकर ह्या मानेस्तानी दिवे पेटोवन कार्यक्रमाचे उद्धाटन केले.ह्या कार्यक्रमांत 163 व्यक्तींनी वांटो घेतलो, उपस्थित कर्मचाऱ्यांनी तांका वेगवेगळी भलायकी सेवा दिल्ल्यो, तातूंत:- सामान्य ओपीडी,आयुर्वेदिक ओपीडी,अशक्तताय, गोडेंमूत, उच्च रक्तदाब, क्षयरोग, आनी कॅन्सर हांची तपासणी,नियमित लसीकरण आनी एचबी तपासणी, भलायकी विशयांचेर जागृताय कार्यावळी जाल्यो.अशी माहिती शिरोडा भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी डॉ. सीमा पै फोंडेकर हाणी दिली.

कायदो जागृताय शिबिरां

मडगाव : साश्टी तालुक्यांत आयज जाल्ल्या कायदो जागृताय शिबिरांत जायत्या जाणांक रोखडेंच राबितो प्रमाणपत्र, जमीन खरेदी सनद, म्युटेशन प्रमाणपत्र, तशेंच जात आनी उत्पन्न प्रमाणपत्रां वांटली. हे शिबीर मडगावच्या जिल्हाधिकारी कार्यालयात जाले.

उपजिल्होधिकारी गणेश बरवे हांच्या मार्गदर्शना खाला हें शिबिर जालें. भौशीक बांदकाम, शार नियोजन, सीआरझेड ह्या सारक्या सरकारी खात्यांतल्या अधिकाऱ्यां सयत जिल्होधिकारी कार्यालयाचे अधिकारी आनी कर्मचारी हाजीर आशिल्ले.

हें शिबिर तालुका कायदे सेवा समितीन आयोजीत केल्लें. नागरिकांक तांच्या कायदेशीर जापसालदारके विशीं आनी सरकारी कायदेशीर सेवां विशीं जागृताय करप हो ह्या शिबिराचो मुखेल हेत आशिल्लो.

लोकांची कागाळी सुटावी करपा खातीर आनी भौशीक सेवा लोकां मेरेन पावोवपा खातीर तशेंच प्रलंबीत आशिल्लीं सरकारी कामां निवळ करपा खातीर दक्षिण गोंयच्या जिल्होधिकारी एगना क्लिटस हाणी दक्षिण गोंयच्या सगळया तालुक्यांनी

उपजिल्होधिकारी, उपविभागीय अधिकारी आनी प्रकरण अधिकाऱ्यांचीं कार्यालयां उक्तीं दवरपाचो आदेश जारी केल्लो. ते प्रमाण आयज हें शिबिर आयोजीत केलें.

जायत्या सरकारी सेवांक एकाच पाख्याखाला हाडपाचो यत्न ह्या शिबिरा फाटल्यान आसलो. हाका लागून लोकांक सोयी बेगोबेग मेळ च्यो आनी अशे तरेन पारदर्शकता, कार्यक्षमताय आनी जापसालदारकी सुनिश्चीत जावची हो हेतू आसलो असे उपजिल्होधिकारी गणेश बर्वे हांणी सांगलें.

ह्या शिबिरांत वेगवेगळया खात्यांतल्या अधिकाऱ्यांनी आनी कर्मचाऱ्यांनी बरो सहकार दिलो अशेंय बर्वे हाणी सांगलें.